Panaji Regional 31st August, 2025 7.20pm

देशाक वोकल फॉर लोकल ह्या मंत्रान आत्मनिर्भर भारत आनी विकसीत भारताच्या ध्येया कडेन मुखार वचपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. तांणी आयज आकाशवाणी वेल्या मन की बात कार्यावळींत म्हणलें,सणासुदीच्या काळात देशवासीयांनी स्वदेशी विसरूंक फावना.मोदी हांणी सांगलें, फकत तीं भेटवस्तू, कपडे आनी सजावटीचीं वस्तू विकतीं घेवचीं, जीं Made in India, म्हळ्यार भारतांत तयार केल्लीं वा भारतीय साहित्यांतल्यान तयार केल्लीं आसतात.

सणाच्या आनंदात नितळसाणेचेर भर दिवपाक जाय कारण जंय नितळसाण आसता थंय उत्सवांचो आनंदूय वाडटा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. एक भारत श्रेष्ठ भारताची भावना देशाचे उदरगती खातीर खूब म्हत्वाची आनी तातूंत खेळांचो व्हड वांटो आसा अशें तांणी सांगलें.श्रीनगरांत जाल्ल्या पयल्या खेळो इंडिया उदका खेळां महोत्सवा विशीं ते उलयले, तातूंत देशभरांतल्या 800 खेळगड्यांनी वांटो घेतिल्लो. प्रधानमंत्र्यांनी डिजिटल प्लॅटफॉर्म प्रतिभा सेतूचो उल्लेख केलो, जातूंत यूपीएससीच्या वेगवेगळ्या परीक्षांचे सगळे टप्पे उत्तीर्ण जाल्ल्या पूण अंतिम गुणवत्ता यादीत तांचे नाव येवंक नाशिल्ल्या उमेदवारांचो डेटा आसा. तांणी म्हळें, या पोर्टल वरवीं खाजगी कंपनि ह्या होनहार विद्यार्थ्यांची माहिती मेळोवंक शकतात आणि तांका नोकरी दिवपाक शकतात.

रामायण आणि भारतीय संस्कृतीचे प्रति प्रेम आता जगाच्या कानाकोपऱ्यात वाढता अशे प्रधानमंत्र्यांनी सांगले. संवसारांतल्या वेगवेगळ्या कानाकोपऱ्यात भारतीय संस्कृताये विशीं वाडत आशिल्ली जागृताय पळोवन खूब खोस जाता अशें तांणी सांगलें.

भारतीय संस्कृतायेचो प्रभाव संवसारांतल्या ल्हान शारांनी लेगीत पळोवंक मेळटा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. इटलींतल्या कॅम्प रोटोंडो हांगा महर्षी वाल्मीकी आनी कॅनडातल्या मिस्सीससोगात भगवान श्री राम हांच्या प्रतिमांचे अनावरण केल्ल्याचो उल्लेख तांणी केलो.

15 सप्टेंबराक भारताचे व्हड इंजीनियर मोक्षगुंडम विश्वेश्वरैय्या हांची जयंती. आमी तो दिस इंजीनियर दिस म्हणून मनयतात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. तांणी म्हणलें, इंजीनियर फकत मशीन तयार करिनात, तर ते सपनांक वास्तवांत रुपांतरीत करपी कर्मयोगी आसतात. भारतांतल्या दरेका इंजिनीयरांची प्रधानमंत्र्यानि कौतुक केले. विश्वकर्मा जयंती 17 सप्टेंबराक आसा, अशे तांणी सांगले. हो दीस देशांतल्या विश्वकर्मा बांधवांक समर्पित आसा, जे पारंपारीक हस्तकला, कुशळटाय आनी  ज्ञानविज्ञान एका पिळगेंतल्यान दुसरे पिळगेक हस्तांतरित करत असतात अशे मोदी हाणी म्हळें. ताणी सांगलें, सुतार, लोहार, सोनार, कुंभार, शिल्पकार, सदांच भारताचे समृध्दीची बुन्याद जावन आसात. प्रधानमंत्र्यानि सांगलें, ह्या विश्वकर्मा बांधवांक मजत करपा खातीर सरकारान विश्वकर्मा येवजणूय सुरू केल्या.

गणपत्ती बाप्पा मोरया, पुढच्या वर्षी लवकर या, अशे तरेच्यो घोशणा दीत आयतारा पाच दिसांच्या गणपती भाविकानी पावयले. गोंयांत चडश्या लोकांचे गणपती देड आनी पाच दिसांचे आशिल्ल्यान आता चवथ लागी लागी सोपल्या. काय जाणांचे गणपती सात दिसांचे आसतात जाल्यार भौशीक गणपती इकरा दिसांचे आसतात. दर्यादेगो तशेच विसर्जन थळांचेर काल सांजे सावन गर्दी जाल्ली. माथ्यार घेवन वा काय जाणानी गाडयेतल्यान मिरवणूक काडून गणपती पावयले. गणपती विसर्जनाक लागून रस्त्यांचेर आयतार आसून लेगीत बरीच गर्दी आशिल्ली.

उच्च माध्यमिक विद्यालय पांवड्यार सगळ्या शाळांच्या विद्यार्थी प्रतिनीधींचो आसपाव आशिल्लो करीयर क्लब घडयतले अशें परवरेच्या शिक्षक प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेच्यो संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी सांगलां. फुडल्या म्हयन्यासावन राज्यातल्या अकरावी आणि बारावीच्या विद्यार्थ्यां खातिर करियर मार्गदर्शन शिबिरा लेगीत आयोजित केल्यात अशी म्हायती तांणी दिली. सगळ्या तालुक्यांनी ही शिबिरा जातलीं. १० सप्टेंबरा दिसा फोंडा आनी धारबांदोडा तालुक्यातल्या विद्यार्थ्यां खातीर हे शिबीर फोंडेच्या राजीव गांधी कला मंदीर सभाघरांत जातलें. विज्ञान आनी व्यावसायीक शाखेच्या विद्यार्थ्यां खातीर सकाळी धां वरांचेर जाल्यार वाणिज्य शाखेच्या विद्यार्थ्याखातीर दनपरां अडेच वरांचेर हे शिबीर सुरु जातले. ह्या मार्गदर्शन शिबिराक फोंडा आनी धारबांदोडा तालुक्यातल्या

सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत उच्च माध्यमिक विद्यालयांतल्या १२ वेच्या विद्यार्थानी शिक्षकासयत उपस्थित रावंचे अशे गोवा SCERT न कळीत केलां.

राष्ट्रीय खेळां दीस 2025 उत्सवाचो एक भाग म्हूण दक्षिण गोंय जिल्ह्याच्या सरकारी अधिकाऱ्यां खातीर फिट इंडिया मिशनाच्या खाला काल नावेलीम स्टेडियमाचेर बॅडमिंटन सर्त आयोजीत केली. ही कार्यावळ भलायकी, फिटनेस, आनी अधिकाऱ्यां मदीं इश्टागत वाडोवपाच्या हेतान जिल्होधिकारी, दक्षिण गोंय, जिल्लो पुलीस, दक्षिण गोंय आनी खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान संयुक्तपणान आयोजीत केल्ली.

बंदरां, न्हंय नौकानयन आनी पर्यटन राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हे मुखेल सोयरो म्हूण ह्या वेळार हजर आशिल्ले. तशेंच एगना क्लीटस, कलेक्टर साउथ गोंय, आनी टिकम सिंग वर्मा, आयपीएस, पुलीस अधीक्षक, दक्षिण गोंय, हेर मानेस्त आनी सहभागी ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

सर्तींत अधिकाऱ्यांनी उमेदीन वांटो घेतलो, ताका लागून फिटनेस, निरोगीपण आनी एकठांय रावपाची भावना आनीक घट जाली.

फाटले दोन दीस पडिल्ल्या उटंगाराच्या पावसाक लागून सांगें आनी धांरबांदोडें केंद्रांत पावस देड शेंकड्याच्या लागीं पावला. 1 जून ते 30 ऑगस्ट ह्या काळांत सांग्यार 148.70 इंच जाल्यार धारबांदोड्यां 148.05 इंचांची नोंद जाल्या. शेनवारा गोंयांत पावसान आसोर केल्लो. कांय कडेन किरकोळ पावसाची नोंद जाली. गोंयांत पडझडीच्यो घडणुको चालूच आशिल्ल्यो.

हवामान खात्यान 31 ऑगस्टाक दक्षीण गोंया खातीर पावसाचो यलो अलर्ट जारी केला. जाल्यार 1 ते 5 सप्टेंबर मेरेन पुराय गेयांत मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय आसा. ते प्रमाण ह्या पांच दिसां खातीर पावसाचो यलो अलर्ट जारी केला. आज पणजे चडांत चड अंश जाल्यार उण्यांत उणें अंश सेल्सियस

तापमानाची नोंद जाली. मुरगांवां चडांत चड तापमान अंश आनी उण्यांत उणें तापमान अंश सेल्सियस आसलें. फुडले स दीस गोंयां चडांत चड तापमान 30 ते 31 अंश जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 24 ते 2५अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय आसा. गोंयांत 1 जून ते 30 ऑगस्ट मेरेन सरासरी 112.80 इंच पावसाची नोंद जाल्या. अंदूं पावसाचें प्रमाण 7.3 टक्क्यांनि चड आसा.